**राज्यपालान राज्य मुख्य माहिती आयुक्त आनी राज्य महिती आयुक्ताक सोपूत दिलो**

पणजी, ता. 3 मार्च 2021

नवीन नियुक्त केल्ले राज्य मुख्य माहिती आयुक्त श्री विश्वास रामनाथ सतरकर आनी राज्य माहिती आयुक्त श्री संजय नारायण धवळीकर हांचो सोपूत विधी सुवाळो दोना पावला राजभवनांत दरबार सभाघरांत काल जालो.

मुख्यमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत हांचे उपस्थितीत राज्यपाल श्री. भगतसिंग कोश्यारीन राज्य मुख्य माहिती आयुक्त आनी राज्य माहिती आयुक्तांक सोपूत दिलो.

राज्य मुख्य माहिती आयुक्त आनी राज्य माहिती आयुक्त कार्यालयांत तीन वर्सांच्या कालावधी खातीर पद धारण करतले.

माहिती आनी प्रसिध्दी खात्याचें संचालक श्री. सुधीर केरकर हांणी राज्य मुख्य माहिती आयुक्त आनी राज्य माहिती आयुक्तांच्या नियुक्तीचो आदेश वाचलो.

अनिवासी वेव्हार आयुक्त श्री. नरेंद्र सावयकर, मुख्य सचीव, श्री परिमल राय, आयएएस; श्री. संजय कुमार, आयएएस, माहिती आनी प्रसिध्दी खात्याचें सचीव श्री. मिहिर वर्धन, राज्यपालांचो सचीव आनी हेर ह्या सोपूतविधी सुवाळ्याक हाजीर आसले.

माहिती आनी प्रसिध्दि खात्याचे, माहिती अधिकारी श्री. ऑलवीन परेरा हांणी ह्या कार्यावळीचे सुत्रसंचालन केलें.

त्या उपरांत, राज्य मुख्य माहिती आयुक्त आनी राज्य माहिती आयुक्तांन गोंय राज्य माहिती आयोगांत आपल्या कार्यचो पदभार स्विकारलो.

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji